आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

१४/०१/२०२५ @ ७. २०

मुखेल खबरो

१.आयज ऑल गोवा एक्स सर्व्हिसमेन वेल्फेअर असोसिएशनान वेटरन्स डेचे आयोजन केले

२. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचीवालय प्रकल्पांतल्या नुतनीकरण केल्ल्या तीन कार्यालयांचे उक्तावण केले.

३. "परीक्षा पे चर्चा" कार्यावळीची तयारी म्हूण सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी वेगवेगळ्या सर्तीचे आनी कार्यावळीचे आयोजन करचे अशे राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेन मागला

४. अंदु लोकोत्सव 2025 महोत्सव 17- 26 जानेवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या दर्यासंगम वाठारात जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या

----------

माजी सेवक

आयज अखिल गोवा माजी सेवक कल्याण संघटणना म्हळ्यार ऑल गोवा एक्स सर्व्हिसमेन वेल्फेअर असोसिएशनान विज्ञान कल्याण

विभाग, गोंय सरकार आनी मुख्यालय 2 एस टी सी च्या सहकार्यान 2 एस टी सी, हॉल हांगा वेटरन्स डेचे आयोजन केले.तिनूय सेवांमधल्या वट्ट 50 परस चड माजी सैनिकांनी वांटो घेतलो. अॅडज्युटंट जनरल हांणी माजी सैनिक दिसाचें म्हत्व अधोरेखित केले. ही कार्यावळ सैनिक कल्याण खात्यान आयोजीत केल्ली.ह्या काऱ्यक्रमांत ज्येष्ठ माजी सैनिकांच्या सेवेचो  गौरव प्रमाणपत्र दिवून भौमान केलो.संघटनेचे अध्यक्ष भालचंद्र आमोणकार हांणीय ह्या वेळार उलोवप केले.

आमच्या माजी सैनिकांच्या निस्वार्थी समर्पण आनी बलिदानाची वळख करून दिवपाक आनी ताचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 14 जानेवारीक सशस्त्र दळ माजी सैनिक दीस मनयतात. फाटल्या वर्सा भशेन अंदू लेगीत आमच्या माजी सैनिकांक आनी वीर बायलांचो सन्मान करपा खातीर गोंयांत णववो सशस्त्र दळ माजी सैनिक दीस मनयलो. सशस्त्र दळाच्या दिग्गज दिसा आमी आमच्या राष्ट्राची राखण करपाक आपलें जिवीत ओंपपी  शूर दादले-बायलांचे उपकार मानतात. तांचो त्याग, धैर्य आनी कर्तव्याविशीं अढळ वचनबद्धताय अनुकरणीय आसा .

सशस्त्र दळांच्या माजी सैनिक दिसा निमतान गोंय क्षेत्राचे ध्वज अधिकारी कमांडिंग आनी नौदल विमानन ध्वज अधिकारी , आर एडीएम  अजय डी थियोफिलस हाणी आयएनएस गोमंतक हांगाच्या अंजदीप झुजाच्या स्मारकाचेर माळ घालून माजी सैनिकांच्या निःस्वार्थ समर्पण आनी त्यागाचो भोवमान केलो.  निवृत्त रियर एडमिरल फिलीपोज जॉर्ज पायनमुटिल, आनी

निवृत्त लेफ्टनंट सीडी सिंग हांणी निवृत्त समुदायाच्या वतीने पुष्पहार अर्पण केलो

---

DIP

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचीवालय प्रकल्पांतल्या नुतनीकरण केल्ल्या कायदो आनी न्याय विभाग, कायदो (आस्थापन) विभाग आनी शिश्टाचार आनी सरबराय विभाग ह्या नुतनीकरण केल्ल्या तीन कार्यालयांचे उक्तावण केले. मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, आयुक्त/सचीव (कायदो आनी न्याय विभाग) संदीप जक्कीस, शिश्टाचार सचीव संजीत रॉड्रिग्स, अवर सचीव श्रेया डिसिल्वा, जोड सचीव अंजू केरकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

---

Rashmi

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज गोंय पर्यटन खाते, गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळ तशेंच गोंय पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांची पर्वरे मंत्रालयात बसका जाली. ह्या बसकेंत गोंयच्या पर्यटनांतल्या वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली,पर्यटन थळांचेर कोयर उडवप्यांचेर कारवाय,पर्यटन वाठारांतले रस्ते दुरूस्त करप,पर्यटन थळांचेर वचपाक खासा येरादारीचे अ‍ॅप सुरू करप,तशेंच tourism hotspot चेर वेगवेगळ्यो आवश्यक साधन सुविधा उबारपाविशीं चर्चा जाली.

Sushant

गोंय मुक्ती लढ्यांतले सुटके झुजारी आनी मडगावचे मानादीक व्यक्तिमत्व दत्ता दामोदर हेगडे हांकां आयज 14 जानेवारी दिसा दनपारां अचकीत मरण आयलें. मरणावेळार तांची पिराय ८७ वर्सां आसली. तांचे कुडीचेर आजच मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदू सभा मसणभुंयेंत निमणे संस्कार जाले. तांचे फाटल्यान तांचे भाव दीपक, उदय, आनी भयण दुर्गा असो परिवार आसा.

भुरगेपणा सावन निर्भय आशिल्ले दत्ता हेगडे हांणी पिरायेच्या सोळाव्या वर्सा गोंय मुक्ती झुजात उडी मारली. १९४७ च्या सुमाराक ताणें आनी ताच्या वांगड्यांनी मडगांव हांगा सत्याग्रह केलो आनी ताका लागून ताका धरपाचे वॉरंट काडले. पूण पोर्तुगेज सैनिकांक घुस्पावन ते गोंयांतल्यान पळून गेले. ते उपरांत गोंय मुक्ती संघर्शांत तांचो भूंयगत वावर चालूच उरलो. गोवा लिबरेशन आर्मी ह्या संघटनेकडेन तांचो घट संबंद आसलो.

Subhash

"परीक्षा पे चर्चा" कार्यावळीची तयारी म्हूण सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी वेगवेगळ्या सर्तीचे आनी कार्यावळीचे आयोजन करचे अशे राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेन मागला. परिक्षा पे चर्चा आतां लोक आंदोलन जावन विद्यार्थ्यांक, शिक्षकांक आनी पालकांक 'परिक्षा एक उत्सव' जावंचो म्हूण उर्बा दिता. १२ जानेवारी म्हळ्यार विवेकानंद जयंती जो राष्ट्रीय युवा दीस

म्हूण मनयतात त्या दिसासावन, नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांच्या जयंती मेरेन म्हळयार २३ जानेवारी २०२५ मेरेन, सगळ्या माध्यमिक शाळांनी ह्या कार्यावळींची माळ चलतली. केंद्रीय शाळा शिक्षण आनी साक्षरता खात्यान सांगिल्ल्या प्रमाण , देशी खेळ सत्रां, मॅरेथॉन धांवप, मिम सर्त, नाटक, ल्हान व्हिडियो, विद्यार्थ्यां कडल्यान प्रशस्ती, विद्यार्थी एंकर -विद्यार्थी सोयरो - मॉडेल पीसी, योग-सह-ध्यान सत्रां, कविता, विद्यार्थ्यांनी विकसीत केल्लीं गितां, पोस्टर-मेकिंग, मानसीक भलायकी समुपदेशन, अशा कार्यावळीचो हांतूत आसपाव आसा. चडान चड विद्यार्थ्यांनी ह्या कार्यावळींनी वांटो घेवन सेल्फी सयत सोशल मिडियाचेर हॅशटॅग वरवीं आपलो पोस्ट घालचो अशे राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेन कळीत केला.

prasad

फोंडाच्या प्रभु नगरांतल्या आदर्श युवा फावंडेशनान युवा दिसा निमतान फोंडाच्या नागा मशिद वाठरात दोळ्यांच्या मोफत तपासणी शिबिराचें आयोजन केलें. ह्या वेळार जल्ल्या उक्तावण सुवाळ्याक तुबा मुल्ला, डॉ.ममता खेडेकर, शिक्षक शीतल सावंत, शांति सुरेश, सलीम बेल्लाद, परवीन शेख, आदर्श युवा फावंडेशनाचे आदर्श तोरस्कर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. दोळ्यांच्या तपासणीचा शिबिराचें उक्तावण मानेस्तांनी दिवो पेटोवन केलें. उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना आदर्श तोरस्कार हांणी सांगलें, कुर्टीचो आदलो सरपंच हुसेन मुल्ला हांच्या उगडासाक आणि युवा दिसा निमतान हें शिबिर आयोजीत केलां. ह्या संदर्भार उलयतना तांणी सांगलें की, आदर्श फावंडेशनान नेमान

शेंकड्यांनी समाजीक फायदेशीर कार्यावळी चालीक लायल्यात आनी हो ताचोच एक भाग जावंन आसा. समाजांतल्या दरेका वर्गाक फुकट भलायकी सेवा मेळची हे खातीर फावंडेशन वावुरता अशेंय तांणी सांगलें. ह्या प्रसंगाचेर डॉ.खेडेकार हांणी दोळ्यांच्या दुयेंसां विशीं म्हायती दिली. ह्या शिबिराक व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो आनी 120 परस चड शिबिरांर्थ्यांनी फुकट दोळ्यांची जतनाय घेवपाच्या शिबिराचो फायदो घेतलो.

Sushant

मुरगांव बंदरात येवपी अंतरराष्ट्रिय क्रूज टर्मिनसाक लागून नविन मार्ग तयार करपा खातीर झाडां कापून पर्यावरणाचो इबाड जावचो न्हय गोंय सरकारान हस्तक्षेप करपाखातीर आपणें केल्ली मागणी मुखेलमंत्र्यान फुडल्या कांय दिसां खातीर मानून घेतल्या म्हणपाची म्हायती मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें दिल्या.

विदेशी पर्यटकांक घेवन मुरगांव बंदरान येवपी क्रूज बोटींचो आकडो दिसान दिस वाडपाक लागिल्ल्यान साधन सुविधा वाडोपाच्या नदरेन केंद्र सरकारान नवो टर्मिनस उबारपाचें थारायला. टर्मिनसाक जोडपी नवो म्हामार्ग बांदपाखातीर सडा - हार्बर वाठारांतली सुमार ३५० झाडां कापची पडटली. ह्या विषयाचेर उलयताना आमदार आमोणकार हाणें म्हळा, की हो विषय खुपच हुसको करपा सारखो आशिल्ल्यान पर्यावरणाचेर ताचो कसो वायट परिणाम जावपाक शकता तें मुखेलमंत्र्याक पटोवन दिला. २१ जानेराक मुरगांवाक भेंट दिवन

पळोवणी करून फुडलो निर्णय घेवपाचे उतर आपणाक मुखेलमंत्र्यान दिला म्हणपाची म्हायती मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें दिल्या.

Sushant

आपले घाणयारे उदक सरळ गटारात सोडपी २१ दुकानांक सील मारपाची कारवाय आयज जिल्हा प्रशासनान केली. गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळाच्या आदेशावरवी ही कारवाय हातात घेतल्या अशी म्हायती साश्टीचे मामलेदार विमोद दलाल हांणी दिली.मडगावातल्या वट्ट ४६ दुकानांक अशी नोटीस धाडल्या. तातूंत मुखेलपणान रेस्टॉरंटा आणि हेर दुकानांचो आस्पाव आसा. हांतल्या १६ दुकानांक काल जाल्यार ५ दुकानांक आयज सील मारपाची कारवाय जाली.हे नेम मोडपी दुकानांच्या मालकांक स्वेच्छेनूच आपलो वेवसाय बंद करपाची सुचोवणी दिल्या नाजाल्यार फुडली कारवाय करची पडटली अशें दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्रीनेत कोठवाळे हांणी सांगलें. ह्या दुकानांची प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी तपासणी केल्ली. ही दुकानां आपले घाणयारे उदक उक्त्या गटारांत सोडटात हे दिसून आयिल्लें.

Rashmi

अंदु लोकोत्सव 2025 महोत्सव 17- 26 जानेवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या दर्यासंगम वाठारात जातलो अशी म्हायती कला

आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.लोकोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो 17 जानेराक सांजेच्या 6.30 वराचेर जितलो.ह्या वेळार गोंयचो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर रावतले जाल्यार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तिनावडे हे मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आसतले.अंदुच्या लोकोत्सवात 20 राज्यातले कलाकार आनी हस्तकारागीर वाटो घेतले,जाल्यार हातुल्ले 600 कलाकार सांस्कृतीक कलांचे सादरीकरण करतले.गोंयचे 20 कलाकारांचे पंगड अंदु गोंयचे लोकनाच तशेंच हेर कला सादर करतले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.

अंदु पयलेच फावट लोकोत्सवात आदीवासी कलाकृतीच्या संकल्पनेचेर आधारीत खासा विभाग आसतलो अशेय मंत्री गोविंद गावडे हांणी ह्यावेळार सांगले. तशेंच कला आनी संस्कृती खात्यावतीन दीतात ते कला गौरव आनी कला वृद्धी पुरस्काराचे वितरण 22 जानेराक जाल्यार,गोवा कला राज्य पुरस्कार आनी गोवा सृजन पुरस्काराचे वाटप 25 जानेराक कला अकादमीत जातले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.

---

Prasad

फोंडाच्या लायन्स क्लब ऑफ फोंडा आनी गोवा शिपयार्ड हांणी दक्षिण गोंयांतल्या क्षयरोग दुयेंतींक जानेवारी महिन्यात फुकट जिवीत गरजेचीं वस्तूचे वाटप केले. दक्षिण गोंयांतल्या भलायकी केंद्रांच्या सुमार 111 दुयेंतींक हीं  गरजेचीं वस्तू दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या निक्षय

मित्र ह्या येवजणे खाला तशेच गोंय शिपयार्डाच्या सीएसआर येवजणे खाला दर महिन्याक क्षयरोगी दुयेंतींक गरजेच्यो वस्तू वांटतात, ही कार्यावळ दक्षिण गोंयांतल्या चिखली, लोटली, कुठाली, फोंडचे आयडी हॉस्पिटल आनी दक्षिण गोयातल्या हेर आरोग्य केंद्रांत चालीक लायली. ह्या वेळार  गोंय शिपयार्डाचे मुखेल भलायकी अधिकारी  डॉ. वेदपाल तारी, गोवा शिपयार्डचे मार्क गोनसल्विस, वास्को  अर्बन भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी , कार्यावळ समन्वयक सुदेश बोरकार फोंडा लायन्स क्लबाचे सचिव दुर्गप्रसाद पै, खजिनदार अंशुल सिंगल,  आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना काऱ्यक्रम समन्वयक सुदेश बोरकार हांणी लायन्स क्लबाचें काम समाजाच्या जायत्या घटकांक मजतीच्या रुपान संवसारभर चालू आसा आनी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या लायन्स क्लबांनी समाज उपयोगी कामां सतत चलतात.  लायन्स क्लबाचे वांगडी समाजांतल्या अंत्योदय तत्वा मेरेन मदत पावपाचें काम सदांच करतात आनी अंदू वर्सा फोंडा लायन्स क्लब आपलो साठावे वर्स मनयता देखून फुडाराक फोंडा लायन्स क्लब कडल्यान जायत्यो समाज उपेगी कार्यावळी चालीक लायतले अशेंय तांणी सांगलें. गोंय शिपयार्डातल्यान जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें  डॉ.वेदपाल तारी हांणी सांगलें, क्षयरोग दुयेंतींक ल्हान ल्हान मजत मेळोवपा खातीर फाटल्या वरसा  सावन लायन्स क्लबाचे सहकारान सतत ही कार्यावळ चालीक लायतात. लायन्स क्लब ऑफ फोंडा पंचक्रोशींत जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें ह्या वेळार उलयतना अंशुल सिंगल हांणी सांगलें

सर्त

कला अकादेमीची 10वी नाट्य ‘ब’ गट सर्त 20 जानेवारी ते 28 जानेवारी 2025 मेरेन दर दिसा सांजवेळा 7:00 वरांचेर रविंद्र भवन, मडगांव हांगा जातली, तातूंत 6 नाट्य पंगड वांटो घेतले. सर्तीच्या उक्तावण उपरांत तियात्राचो पयलो शो “घटस्फोट आमंत्रण” २० जानेवारीक  सांजवेळा ७:०० वरांचेर सादर करतले.

---

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस  मिनटांचेर. नमस्कार